07.03.2025 @ 7.20 pm

Rashmi 190

बायला देशाच्या जडणघडणीत महत्वाची भुमिका वठयतात, ताका लागुनुच सरकारान बायलांच्या सक्षमीकरणाक महत्व दिला अशे राज्यापाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांणी म्हणला.बेटी बचाव बेटी पढाव उपक्रमावरवी चालीक लायिल्लया वेगवेगळ्या येवजण्यांखातीर महिला सक्षमीकरणाक बरी माची मेळ्ळ्या अशे ह्यावेळार राज्यापाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांणी म्हणला. गोंय सरकार लेगीत बायलाच्या सक्षमीकरणाच्या नदरेतल्यान बरे काम करता अशी तुस्त राज्यपालान ह्यावेळार केला.ते बेटी बचाव बेटी पढाव येवजणेक 10 वर्सा पुरा यजाल्या निमतान आयोजित केल्या खासा कार्यावळीत उलयताले. ही कार्यावळ पणजे दोनापावल राजभवनात दरबार सभाघरात जाली. बायलांक रेसपेदान वागोवपाक जाय, दादलो आनी बायल असो भएदभाव जावपाक जायना, गोंय सरकारा बायलांक अर्थिक, सामाजिक नदरेतल्यान सक्षम करपाक काम करता अशे ह्यावेळार बायला आनी भुरगी उदरगत खात्याचे मंत्री विस्वजीत राणे हांणी म्हगणला. बेटी बचाव बेटी पडाव येवजणेचो लाव गोंयच्या सगळ्या बायलांक मेळोवन दिवपाखातीर सरकार काम करता अशेयं तांणी म्हणला. पुश्टीक आहार, एनेमिया आशिल्या बायलाक खासा उपचार, तशेंच भुरगे नाशिल्या बायलांक गुरुवार जावपाक खासा उपचार दिवपाची भलायकी सेवा गोंय सरकारान चालीक लायल्या अशी म्हायती ह्यावेळार बायला आनी भउरगी कात्याचे सचिव अरुण कुमार मिश्रा हांणी दिला.जाल्यार चलयांक ताची सपना , ताचो करीयर घडोवपाक मुखार सरपाक तांच्य घरातल्यांनी आनी समाजान तेको दिवपाक जाय अशे उत्तर गोंय जिल्होधिकारी सेन्हा गीते हांणी म्हणला

Ganesh 110

गोंयांत येवपी बायलां पर्यटकां खातीर खोशयेची खबर.संसारीक बायलां दिसाचे निमतान गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळ खासा बायलां खातीर आपले हॉटेलांत रावपाक 50 टक्के सुट दितली, अशी म्हायती जीटीडीसीन परिपत्रका वरवीं दिल्या.संसारीक बायलां दिसा निमतान गोंयात चड पर्यटक येवचे ह्या हेतान जीटीडीसीन हे पावल उबारलां. जीटीडीसीची गोंयभर गोव रेसिडेन्सी ही हॉटेला आसात त्या हॉटेलांनी कुडींच्या बुकींगाचेर बायलांक 50 टक्के सुट मेळटली.7 मार्च ते 9 मार्च मेरेन बायलां पर्यटक जीटीडीसीच्या रेसीडेन्सी हॉटेलात रावतली तांकां 50 टक्के सुट दिवपाचो आदेश

परिपत्रका वरवीं जारी जालां. तशेंच हो निर्णय लागू करचो अशे निर्देश जीटीडीसीचे सर वेवस्थापक कुलदीप आरोलकार हांणी रेसीडेन्सीच्या सगळ्या वेवस्थापांक दिला. कुडीचे बुकींग केल्यार तांकां 50 टक्के लाव हो तेन्नाच लागून जातलो, अशी म्हायती परिपत्रकान दिलां.

Sequeira sushant 130

वेस्टर्न बायपास रस्त्याचेर तीन सुवातींनी येरादारी सिग्नल्स बसोवपाचे आसात. ही म्हायती पर्यावरण आनी कायदो मंत्री अालेक्स सिक्वेरा हांणी आयज मडगावात पत्रकारां कडेन उलयतना दिली. आज ते जिल्होधिकारी कार्यालयात लोकांच्याे कागाळी आयकून घेवपाखातीर आयिल्ले. ह्यावेळार उलयताना तांणी सांगलें, वेर्णा ते माजोर्डा जंक्शन ह्या वाठारांत तसेच वेर्णा ते गुळापे वॉर्ड मेरेन आनी वेर्णा सावन कांसावली जंक्शन अशा तीन सुवातींनी हे सिग्नल्स बसयतले. ह्या कामाक येरादारी पुलीस आनी भौशीक बांदकाम खात्यान मान्यताय दिल्या अशी म्हायती तांणी दिली. वेर्णा हांगाच्या फादर आग्नेल इन्स्टिट्यूट ते नुवे मेरेनचो रस्तो रुंद करचो न्हय अशी मागणी घेवन आयज तांच्या लागी लाेक आयिल्ले. त्या लोकांचे आपणे समादान केला. ह्या रस्त्यार डिव्हायडर घालचे न्हय अशी लोकांची मागणी आशिल्ली. मात ह्या वाठारात जायती शैक्षणिक आस्थापना आसात त्याखातीर तांचे सुरक्षेखातीर हे डिव्हायडर घालप गरजेचे आसा अशी म्हायती सिक्वेरा हांणी दिली.

Subhash 90

विद्यार्थ्यांमदी नागरी मूल्यां रुजोवपाक देश अपनायें कार्यावळ बरीच लावकारक थारता अशें राज्य शिक्षण आनी प्रशिक्षण संस्थेच्यो संचालक मेघना शेटगांवकर हांणी सांगले. देश अपनायें सहयोग फावंडेशन संस्थेन राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांतल्या ॲक्टीझन्स क्लबाच्या शिक्षकांक आनी विद्यार्थ्यांक वर्सुकी इनामां भेटवण सुवाळ्यांत त्यो आयज पणजेंत उलयताल्यो. एस सी इ आर टी चे समन्वयक डॉ. गोपाळ प्रधान हे लेगीत ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले. नागरी मूल्यां रुजोवपा वांगडाच आमच्या विभक्त कुटुंब पद्धतीक लागून ' सहानुभूती ' सारखी मूल्यां लेगीत आयच्या पिळगेक शिकोवची पडटली अशें ॲक्टीझन्स इनामां भेटवण कार्यावळीच्यो मुखेल सोयऱ्यो मेघना शेटगांवकर हांणी सांगले. Byte

Education Rashmi 120

शिक्षण खात्याकडे नोंदणी नाशिल्ली पुर्व प्राथमिक शैक्षणिक संस्थाचेंर शिक्षण खाते कडक कारवाय करतले अशी शिटकावणी शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या. राज्यात कांय खाजगी पुर्व प्राथमिक शाळा चलतात अशे शिक्षण खात्याच्या नदरेक आयला. ह्या शाळांकडे शिक्षण खात्याची परवानगी ना, ताका लागुन त्यो नोंदणीकृत नाशिल्यान ह्यो शाळा बेकायदेसीर थारता, असा शालांनी पालकांनी आपल्या भुरग्यांक घालचे न्ही, तांचे शिक्षण ग्राह्य धरचे ना अशे झिंगडे हांणी कळीत केला. तशेच बेकायदेशीरपणान शाळा चलोवपी वेवस्थापनाचेंक 50 हजार दंड दितले. ते भायर दर दास 10 हजार रुपया इतक दंड दितले. गोंय राज्य शिक्षण कायद्यावरवी पुर्व प्राथमिक शालांनी नोंदणी महत्वाची आसा. फुडल्या एका म्हयन्याभितर राज्यातल्या अशा शाळांचो सर्वे शिक्षण खाते करतले, ते खातीर तालुका पावंड्यावेले तशेंच विभागिय पांवड्यावेले शिक्षण अधिकारी काम करतले अशी म्हायती शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या.

राजेश 170

गोव्यात सुशिक्षित तरणाट्यां खातीर रोजगाराच्यो खूप संधी उपलब्ध आसात. या संधीचो लाभ घेवन तरणाट्यानी आपलो पुढार घोडवपाची गरज आसा हाचे मुखार सरकारी नोकऱ्यांखातीर प्रशिक्षण संस्थांच्या प्रमाणपत्राची आनि अनुभवाची गरज लक्षात घेऊन सरकारी नोकरी दितले अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. गोंय सरकारचे उच्च शिक्षण खातें आनि स्किल डेव्हलपमेंट संचालनालय हांच्या जोडपालवान आज 07 मार्च साखळेच्या रवींद्र भवनात आयोजित केल्या रोजगार आनि इंटर्नशिप नोंदणी कार्यावळीक मुखेल सोयरे या नात्याने मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत उलयताले. हे वेळार खात्यांचे संचालक ,उपसंचालक आनि हेर मानेस्त हजरआसले . मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं मुखार सांगलें की प्रधानमंत्री इंटनशिप कार्यावळीखाला एक कोटी सुशिक्षित तरणाट्याक रोजगार दिवपाचो हावेस आसा .गोयात सुमार 1000 रीत्यो जागो आसात. हे योजनेखाला खाजगी कंपनी अशा सुशिक्षित तर नट्यांक दर महिन्याक पंधरा ते वीस हजार रुपया आनि प्रधानमंत्री इंटनशिप

योजनेखाला सुमार 4400 महिन्याक मेळटात. हे येवजणेखाला नोकरी आसा पुण उमेदवार ना अशी स्थिती निर्माण जाल्या.हाचेमुखार सरकारी नोकरी खातिर इंटर्नशिप तशेच अनुभवाची गरज मतीत दवरुन सरकारी नोकरी दितले. उमेदवाराकडे संबंधित कंपनीचो इंटर्नशिप दाखलो आनि अणभवअशिल्याचें प्रमाणपत्र आसप गरजेचें अशे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं सांगले.

Rajesh 100

दिवचल म्हालातल्या नावेली साखळी हांगसर आशिल्ल्या सुमार 700 वर्षांची परंपरा लाभिल्या श्री लक्ष्मीनारायण मंदिर पुन: प्राणप्रतिष्ठापना सुवाळो आयोजित केला. चार दिसांची खाशेली कार्यावळत धार्मिक आणि सांस्कृतिक कार्यावळींचे आयोजन केला. आयज 7 मार्च सांजवेळा सात वरांचेर प्रथमेश लगाटे आनि मुग्धा वैशंपायन यांची गायनाची मैफल जातली. सोमारा सांजे सातवरांचेर नामनेची गायिका मंजुषा कुलकर्णी हीचो स्वरमंजुषा ही कार्यावळ जातली .त्याच प्रमाण या मंदिर प्राणप्रतिष्ठापना निमतान सत्कार सोहळ्याचे आयोजन केला. या सुवाळ्याक राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हणून हजर असतले. त्यांच्या वांगडा वेदांताचे सप्तेश सरदेसाई ,फोमेंतोचे अंबर तिंबले ,नावेली ग्रामपंचायतीचे सरपंच रोहिदास कानसेकर आनी हेर हजर आसतले. सगळ्यांनी व्हडा संखेन हजर रावचें अशें आवाहन श्री लक्ष्मीनारायण मंदिर पुन: प्राणप्रतिष्ठापना समितीन केला

Rajesh 90

रवींद्र भवन साखळी आनी पद्मिनी फाउंडेशन हांच्या जोडपालवान फाल्यां 8 मार्च साखळी रवींद्र भवनात दनपारां अडीच वरांचेर स्वयंपूर्णा :उत्सव स्त्रीच्या अस्तित्वाचा" ही कार्यावळ आयोजित केल्या. हे सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. त्यांच्या वांगडा जिल्हो पंचायत वांगडी गोपाळ सुर्लेकर ,पद्मिनी फाउंडेशनची अध्यक्ष सुलक्षणा सावंत ,साखळी नगरपालिकेची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू आनी साखळी रविंद्र भवन चे उपाध्यक्ष दत्ताराम चिमूलकर हजर आसतले. जागतिक महिला दिनाच्या निमतान आयोजित हे खाशेले कार्यावळीक सगळ्यांनी

व्हडासंख्येन हजर रावचें अशे आवाहन कार्यावळीची संयोजक स्वाती माइणकर हिणें केला.

Mahesh sir 80

आकाशवाणी पणजी तातुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता⁎*शिक्षणीक पात्रताय :: पदवी मेरेनचें शिक्षण⁎*पिराय :: FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा तशेंच कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो हे जोडचे⁎*कामाच्या दिसांनी 11 ते 1 वरां मजगती तुमचे पुराय भरिल्ले अर्ज घेवन येयात आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे हांगा⁎. *अर्ज पावपाची निमणी तारीक :: 17 मार्च
*अर्जा वांगडा परीक्षे खातीरची फी भरची पडटली.⁎
*हे जागे तातुरत्या कराराचेरच आसात हे लक्षात घेवचे.⁎

बायला देशाच्या जडणघडणीत महत्वाची भुमिका वठयतात, ताका लागुनुच सरकारान बायलांच्या सक्षमीकरणाक महत्व दिला अशे राज्यापाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय हांणी म्हणला

संसारीक बायलां दिसाचे निमतान गोंय पर्यटन उदरगत महामंडळ खासा बायलां खातीर आपले हॉटेलांत रावपाक 50 टक्के सुट दितली

शिक्षण खात्याकडे नोंदणी नाशिल्ली पुर्व प्राथमिक शैक्षणिक संस्थाचेंर शिक्षण खाते कडक कारवाय करतले अशी शिटकावणी शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी दिल्या

सरकारी नोकऱ्यांखातीर प्रशिक्षण संस्थांच्या प्रमाणपत्राची आनि अनुभवाची गरज लक्षात घेऊन सरकारी नोकरी दितले अशें मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं